**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ____________________

   (Name) ____________________

2. (Signature) ____________________

   (Name) ____________________

**Answer Sheet No. :** ..............................................

(To be filled by the Candidate)

**Roll No.** | | | | | | | |

(In figures as per admission card)

**Roll No.** ____________________

(In words)

**Test Booklet No.**

**J—8506**

**PAPER—II**

# KONKANI

**Time : 1¼ hours]** **[Maximum Marks : 100**

Number of Pages in this Booklet : **16** Number of Questions in this Booklet : **50**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of fifty multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the question booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the Serial No. of the booklet should be entered in the Answer-sheets and the Serial No. of Answer Sheet should be entered on this Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the oval as indicated below on the correct response against each item.

   **Example :** (A) (B) ⬬ (D)

   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the Answer Sheet given **inside the Paper I booklet only**. If you mark at any place other than in the ovals in the Answer Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your name or put any mark on any part of the test booklet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is NO negative marking.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. पहले पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचास बहुविकल्पीय प्रश्न हैं।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी। पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें। खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं। दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें। इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे। उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा।**
   (iii) इस जाँच के बाद प्रश्न-पुस्तिका की क्रम संख्या उत्तर-पत्रक पर अंकित करें और उत्तर-पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं। आपको सही उत्तर के दीर्घवृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है।

   **उदाहरण :** (A) (B) ⬬ (D)

   जबकि (C) सही उत्तर है।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पत्र I के अन्दर दिये गये** उत्तर-पत्रक पर ही अंकित करने हैं। यदि आप उत्तर पत्रक पर दिये गये दीर्घवृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिन्हांकित करते है, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें।
8. यदि आप उत्तर-पुस्तिका पर अपना नाम या ऐसा कोई भी निशान जिससे आपकी पहचान हो सके, किसी भी भाग पर दर्शाते या अंकित करते हैं तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित कर दिये जायेंगे।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर उत्तर-पुस्तिका निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पैन का ही इस्तेमाल करें।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है।**
12. **गलत उत्तर के लिए अंक नहीं काटे जायेंगे।**

# KONKANI

# कोंकणी

## PAPER – II

## प्रस्नपत्र – II

**सुचोवण्यो :** (i) दर एका प्रस्नाची जाप ताचे कुशीक दिल्ल्या A, B, C, D ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षरांत दिंवची.

(ii) दर प्रस्नाचे सारके जापेक दोन गुण दवरल्यात.

(iii) सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो दिवच्यो.

(iv) ह्या प्रस्न-पत्रांत वट्ट पन्नास (50) भौपर्यायी प्रस्न आसात.

1. सोळाव्या शेंकड्या – आदलें 'कोंकणी रामायण' हया पुस्तकाचें संपादन कोणे केलें?

(A) जिझेलीन रिबेलु

(B) दियोगु रिबेयरु

(C) आर्नाल्द मिनेझिस

(D) प्रो.डॉ. ओलिवीन्यु गोमिश

2. कारवारांत खंयची बोली उलयतात?

(A) मंगळुरी

(B) कोडयाळी

(C) बार्देसी

(D) अंत्रुजी

3. 'हुंवार' कथेचो बरोवपी कोण?

(A) मीना काकोडकार

(B) जयंती नायक

(C) जयमाला दणायत

(D) शीला नायक

4. 'तर्नें तर्नें मोर्नें' हें पुस्तक खंयच्या साहित्य - प्रकारांत मोड्टा?

(A) कविता झेलो

(B) नाटक

(C) नवलिका

(D) एकांकी

5. 'सर म्हजी सर्जकता प्राचीच्या नांवार चलयतात' हें खंयच्या एकांकीतलें आसा?

(A) 'अस्तित्व'

(B) 'सर्त'

(C) 'मर्णकटो'

(D) 'वेंचणूक'

6. 'कला ही जिविताची अनुकृती' हो सिद्धांत कोणी मांडलो?

(A) हेगेल

(B) ॲरिस्टॉटल

(C) सुसान लँगर

(D) लाँजायनस

7. 'तियात्र' हें लोकवेदाच्या खंयच्या प्रकारांत आसपावता?

(A) लोकगीत

(B) लोककथा

(C) लोकनाट्य

(D) लोकनृत्य

8. अभिजीत या लिखणे नांवान हांणी काव्य बरयलें -

(A) पांडुरंग भांगी

(B) बाकीबाब बोरकार

(C) शंकर रामाणी

(D) वामनबाब सरदेसाय

9. 'निसर्गाचें उदात्तीकरण आनी अज्ञाताची ओड' खंयच्या वादांत म्हत्वाची आसता?

(A) अभिजातवाद

(B) वास्तववाद

(C) यथार्थवाद

(D) स्वच्छंदतावाद

10. 'जेवूनच वच रे' हो निबंद बरोवपी हांतुतलो कोण?

(A) लक्ष्मणराव सरदेसाय

(B) दत्ताराम सुखटणकार

(C) रामचंद्र नारायण नायक

(D) र. वि. पंडित

11. सकयल दिल्लीं खंयची विधानां चूक आसात?

(A) 'बांगर बैल' ही कविता 'गा आमी राखणे' या कविता झेल्यांत आसपावता.

(B) 'गा आमी राखणे' या कविता झेल्यांत 'बांगर बैल' ही कविता आसपावना.

(C) 'देमू' हें पात्र 'भाटकाराचो सत्यनारायण' या कवितेंतले आसा.

(D) 'पावसा यो पुता रडपाक' ही कविता 'गा आमी राखणे' या कविता झेल्यांतली आसा.

(A) B आनी D

(B) A आनी C

(C) B आनी C

(D) A आनी D

12. कालच गाडगीळ भटजीगेर म्हाका सोमार करतल्या एका जाणट्या मनशान म्हळें, 'तुमी तुर्ताक वानप्रस्थाश्रम घेतला काय कितें?' हें वाक्य खंयच्या बरोवप्याच्या, खंयच्या निबंदातलें आसा?

(A) रामचंद्र शंकर नायक - 'जाफर भाय'

(B) लक्ष्मणराव सरदेसाय - 'थळांतल्यो खबरी'

(C) मनोहरराय सरदेसाय - 'ल्हानपणांतल्यो यादी'

(D) रवींद्र केळेकार - 'आयज पुनव ओतताली'

13. 'व्हंकल पावणी' ही कथा कोणे बरयल्या?

(A) पुंडलिक नायक

(B) चंद्रकान्त केणी

(C) जयमाला दणायत

(D) दामोदर मावजो

14. सकयल दिल्लें खंयचें विधान बरोबर आसा?

(A) 'सासाय' हो रमेश वेळुस्कार हांचो कविता झेलो आसा.

(B) 'जोगलांचें झाड' हो नागेश करमली हांचो कविता झेलो आसा.

(C) 'दिश्टावो' हो पांडुरंग भांगी हांचो कविता झेलो आसा.

(D) 'गोठलां' हो कविता झेलो माया खरंगटे हांचो आसा.

15. 'ओंवळां' हो कथासंग्रह हांतुतल्या खंयच्या वर्सा उजवाडायलो?

(A) 1960

(B) 1945

(C) 1935

(D) 1930

16. 'आतां थोड्याच काळांत झाडान झाड चंवरुंक लागतलें' बाकीबाब बोरकाराली ही भविश्यवाणी सर्वार्थान खरी जाल्या. कारण -

(A) प्रत्येक कवी आपापले परीन कवितेच्यो नव्यो शक्ती सोदीत आसा.

(B) काव्य प्रतिमा कितल्या वेगळ्या वेगळ्या आंगांनी बळत आसा.

(C) गोंयच्या कवितेक गोंयच्या मातयेचो वास आसा.

(D) गोंयची सासाय जागी जावन तिजी वाणी कोंकणी समाजाच्या सगळ्या थरांच्या कंठातल्यान उलौंक लागल्या.

17. 'दिसा सपनाचो' सिद्धांत कोणे मांडलो?

(A) जॉन्सन

(B) वर्डस्वर्थ

(C) फ्रॉईड

(D) प्लेटो

18. कथा आनी तांतुतलें पात्र हांची फावो ती जोडी लायात.

(A) पराजिता - विजय

(B) तळमळे - गुलाब

(C) रुद्र - रघुभट

(D) निरोप - वसंत

19. 'दर्या गाजोता' क समीक्षणात्मक प्रस्तावना कोणे बरयल्या?

(A) फा. मॅथ्यू आल्मैदा

(B) स्वामी सुप्रिय

(C) फा. प्रताप

(D) फा. आंतोनियु परैरा

20. बरोवपी आनी कथा हांची फावो ती जोडी लायात.

(A) विशुती - चंद्रकान्त केणी

(B) पाल - शीला नायक

(C) कासय - पुंडलिक नायक

(D) किळांच - दीपा मुरकुंडे

21. 'वेंकटेशकल्याण' या काव्याचो कवी कोण?

(A) आर. अनंत भट

(B) एन. एन. आनंदन

(C) शरत्‌चंद्रन्

(D) अज्ञात

22. पी.जी. कामत, वत्सला मंजुनाथ राव, श्रीधर शेणय, सुशीला त्रिविक्रम भट हे बरोवपी हांतुतल्या खंयच्या राज्यांतले?

(A) कर्नाटक

(B) गोंय

(C) केरळ

(D) महाराष्ट्र

23. 'कोंकणी समीक्षण : तत्व आनी प्रयोग' हें समीक्षणात्मक लेखांचे पुस्तक कोणालें?

(A) डॉ. श्री. शं. फडके

(B) डॉ. सु.म. तडकोडकार

(C) डॉ. मनोहरराय सरदेसाय

(D) डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार

24. 'धर्तरेच्या कुसव्यांतले, लोखणाचें कूळ तुजें
कापशिणीच्या पुता लागी, सूत तुजें जमलें कशें?'

ह्यो वळी कोणाच्या कवितेतल्यो आसात?

(A) नागेश करमली

(B) शंकर रामाणी

(C) मनोहरराय सरदेसाय

(D) माधव बोरकार

25. 'सदांकाल' ह्या उतराचो समास वळखात.

(A) कर्मधारय समास

(B) अव्ययीभाव समास

(C) बहुव्रीही समास

(D) तत्पुरूष समास

26. 'पाय' तियात्रिश्ताचें नांव किदें?

(A) जुवांव आगुश्तीन फेर्नांदिश (B) आलेशां द कांदोलीन

(C) प्रिन्स जेकब (D) प्रेमकुमार

27. माधव बोरकार हांच्या कविता झेल्यांची वर्साप्रमाण क्रमवारी लायात.

(i) 'वताच्यो सावळ्यो'

(ii) 'पर्जळाचें दार'

(iii) 'चंवर'

(iv) 'उजवाडाचो रूख'

(A) iii, i, iv, ii (B) iv, i, iii, ii

(C) i, ii, iii, iv (D) iii, i, ii, iv

28. भुरग्यां खातीर पयलो शब्दकोश कोणे बरयलो?

(A) दियोगु रिबैरु (B) लिओनार्द सिनामो

(C) मारियो पावल होमेन (D) सिमांव आल्वारिश

29. लोककथेची एक खाशेली धाटणी आसता. हाचें कारण-

(A) ती सरळ एके वळीन चलची पड्टा

(B) ती एकट्यान सांगल्या तशीच दुसऱ्याकडल्यान सांगूक जाता.

(C) ती मौखिक परंपरेन सांगपाक येता.

(D) काणी कांगपी मनशाक ती लांबोवची पड्टा.

30. 'रिगलो जेझु मळ्यांतु' हे खंडकाव्य कोणे रचलें?

(A) ज्युआंव द पेद्रोझा (B) पाद्री ज्योर्की मिरांदा

(C) पाद्री आन्तोन्यु द साल्दांञ्ज (D) जुआंव द सां माथियस

31. हांतुतले र. वि. पंडितालें पुस्तक खंयचें?

(A) फॉरेन जांवय

(B) भायली गोडी

(C) म्हजें उतर गावड्याचें

(D) कारबारी कोंकणी

32. नवलकाणी आनी बरोवपी हांची चुकीची जोडी सांगात-

(A) काळीगंगा - महाबळेश्वर सैल

(B) घुस्मटमार - शांता खांडेपारकर

(C) पाखलो - तुकाराम शेट

(D) विराट - दामोदर मावजो

33. 'गीता- प्रवचनां' हें गीतेवेलें प्रवचनाचें पुस्तक कोणे अणकारलां?

(A) बाकीबाब बोरकार

(B) रवींद्र केळेकार

(C) सुरेश आमोणकार

(D) दत्ताराम सुखटणकार

34. हांतुतलें खंयचे विधान चूक आसा?

(A) कोंकणींतलीं कांय विशेशणां नामाच्या लिंग वचनाप्रमाण बदलतात.

(B) कोंकणींत क्रियापदां नाशिल्लीं वाक्यां आसात.

(C) कोंकणींत वाक्यांतल्या उतरांचो क्रम हेवटेन तेवटेन केल्यार वाक्य चूक जायना.

(D) कोंकणींत क्रियाविशेशणां सगळीं अव्ययांत आसपावतात.

35. सकयल दिल्ल्या कोंकणी भाशेच्या इतिहासांतल्या घडणुकांचो क्रम लायात.

(i) गोंय विद्यापीठांत कोंकणी विभागाची थापणूक

(ii) गोयांत कोंकणी भाशा मंडळाची थापणूक

(iii) गोवा कोंकणी अकादमीची थापणूक

(iv) मुंबय, कोंकणी भाशा मंडळाची थापणूक

(A) iv - ii - iii - i (B) ii - iii - iv - i

(C) iv - iii - ii - i (D) i - ii - iii - iv

36. संस्कृतातलें 'रघुवंश' हें महाकाव्य अणकारीत करपी श्रीपाद रघुनाथ देसाय, हांणी आनीक कसलें मोलादिक लेखन केलां?

(A) 'कोंकणी शब्दसागर'

(B) 'वज्रकुटकम्'

(C) 'कोंकणी - कोंकणी शब्दकोश'

(D) 'कोंकणी विश्वकोश'

37. हांतुतली कृती आनी फावो तो साहित्य प्रकार हांची जोडी लायात.

(A) आशाढ पांवळी - काव्य

(B) भेरें भेरें टुणटुणें - एकांकी

(C) मोनी व्यथा - नाटक

(D) प्रस्न - नवलकाणी

38. सामाजिक कोंकणी कथेच्या मळाचेर गोंयचे कोंकणी कथेन खूब उदरगत केल्या. हांचे कारण -

(A) कथेन चडशी बंदना ना जाल्लीं

(B) कथेचे तंत्र आनी विशय हांचे बाबतींत कथाकार नवे नवे प्रयोग करुंक लागले.

(C) घरांतल्या प्रस्नांसावन अंतर-राष्ट्रीय प्रस्नांमेरेन आनी कायद्या सावन कॉम्प्यूटरा मेरेन सगळे तरेचे विशय कथाकार हाताळूंक लागले.

(D) भायलें जग बदलता तशें कथेंचे जगूय बदलूंक लागलें.

39. ‘ता, ता, तिंगण’ पुस्तकाचो साहित्य प्रकार कसलो?

(A) नाटक

(B) बालगीत संग्रह

(C) कथा

(D) निबंद

40. दामोदर मावजो हांची ‘विशुती’ ही कृती कथेच्या खंयच्या प्रकारांत आसपावता?

(A) नवलकथा

(B) सामाजिक कथा

(C) विडंबन कथा

(D) विज्ञान कथा

41. भारतीय भासांचे सर्वेक्षण सगळ्यांत पयलीं कोणें केलें?

(A) सु. मं. कत्रे

(B) ग्रियर्सन

(C) सोस्यूर

(D) विल्यम केरी

42. हातुंतले खंयचे विधान चूक आसा?

(A) ‘मांडो’ हो संगीत-नृत्य प्रकार आसा.

(B) लोकवेदांत ‘मांड’ या संकल्पनेक भौ महत्व आसता.

(C) ‘मांडो’ हो संगीत-नृत्य प्रकार 21 व्या शतमानात जल्मा आयलो.

(D) ‘मांडो’ चो पयलो रचनाकार लुदोविक पेरैरा.

43. 'कन्दवी' वा 'गोंयकानडी' या लिपयेचें दुसरें नांव खंयचें?

(A) ब्राह्मी

(B) द्राविडीयन

(C) देवनागरी

(D) हळेकन्नड

44. 'गोंयकाराची गोंयां भायली वसणूक' ह्या पुस्तकांत हांतुतल्या खंयच्या विशयाचेर संशोधन आयलां?

(A) गोंया भायर वचून व्हडविकेक पाविल्ल्या गोंयकार हिंदूच्याच इतिहासाचेर.

(B) गोंया भायर वचून व्हडविकेक पाविल्ल्या हिंदू आनी क्रिस्तांव गोंयकाराच्या इतिहासाचेर

(C) गोंया भायर वचून व्हडविकेक पाविल्ल्या फकत मराठणांत रावील्ल्या गोंयकारांच्या इतिहासाचेर.

(D) पुर्तुगेज सत्तेच्या सुरवेच्या काळार गोंयाभायर वचून नामना जोडिल्ल्या गोंयकार हिंदूच्या इतिहासाचेर.

45. हांतुतल्या खंयच्या भासांचो कोंकणी वांगडा आठवें वळेरेंत आसापाव जाल्लो?

(A) नेपाळी - राजस्थानी

(B) मणिपुरी - मैथिली

(C) मणिपुरी - नेपाळी

(D) नेपाळी - मैथिली

**हो उतारो वाचून, सकयल दिल्ल्या प्रश्नांच्यो जापो बरोंवच्यो :**

जर्मन भाशेंतलो हो एक व्हडांतलो व्हड नाटककार, व्हडांतलो व्हड नवलकथाकार. तांणें आत्मकथा बरयल्या : बऱ्यांतली बरी. प्रवास वर्णन बरयलां : बऱ्यांतले बरें. ताची सुमार तेरा हजार पत्रां उजवाडा आयल्यांत : बऱ्यांतली बरी. एक्करमान नांवाचो तागेलो एक भक्त. ताणें तांचेकडेन केल्ल्या खबरांचे एक पुस्तक बरयलां, 'कन्वरसेशन्स विथ गेटे' ह्या नांवान तें इंग्रजींत मेळटा. नित्शेच्या मतान तें जर्मन बरपावळींतलें बऱ्यांतलें बरें पुस्तक. शॉ म्हणटालो, एका एका काळार साहित्याच्या मळार असो एक मनीस जल्मा येता Who reaps the whole harvest and reduces those who come after to the rank of mere gleaners. –

एकलोच सगळे शेत लुंवन व्हरता. बाकिच्यांक वेंचून काडपाक शेतांत कांय दाणेच फकत दवरता. तशें, एकल्या गेटेन जर्मन साहित्यांतले सगळें व्हडपण लुंवन व्हेल्लें. उपरांतच्या लोकां खातीर कांयच दवरुंक नाशिल्लें.

पुणुन मनीस ह्या रुपान खंय तो सुवार्थी, अंदुखो, आत्मकेन्द्रीत, अहंमन्य, दुस्वासी आशिल्लो. तो कोणाक लेखी नाशिल्लो. कोणाक वयरुय सरुंक दिनाशिल्लो वयर सरतल्याक सकल ओड्टालो.

सॉमरसेट मॉमान गेटेचेर एक निबंद बरयला. तांतूत ताणें गेटेचे गूण सांगल्यात. अवगुणूय दाखोवन दिल्यात आनी असल्या मनशाकडेन पळेता आसताना खंयच्या हारश्यांतल्यान पळोवंक जाय हें सांगपाक एक परिकथा सांगल्या, जाचो सार असो आसा -

एक सुंदर राजकुंवरी, सूर्याच्या कोटांत बंदिस्त उरली. तिका सोडवपाक, खूप वर्सांनी एकट्याक येश मेळ्ळो, पूण तिका पळोवन ताका आकांताचो धसको बसलो. राजकुंवरीन म्हळें, तुका म्हजें खरेलें रुप हारशांत पळोवंक मेळटलें. हारसो केन्ना फटयना.

हाच्या वयल्यान सांगू येता की कविचे खरेलें रुप आमकां ताचे कवितेच्या हारशांत पळोवंक येवंक जाय. कविच्या म्हऱ्यांत वंचूक जायना.

46. सृजनशील कलाकाराचे खरेलें रुप खंय पळोवंक जाय?

(A) ताचे सृजनशीलते भितर

(B) ताच्या आत्म्या भितर

(C) ताच्या व्यवहारा भितर

(D) ताचे बुद्‌ध भितर

47. सॉमरसेट मॉमान गेटे विशीं निबंद बरयला तातूंत कोणाची कथा सांगल्या?

(A) हारश्याची

(B) परिची

(C) कला रुपाची

(D) मनशाची

48. गेटेन जर्मन साहित्य बरयलें तशें कालिदासान खंयचे साहित्य बरयलें?

(A) संस्कृत-हिंदी साहित्य

(B) संस्कृत-मागधी साहित्य

(C) संस्कृत-अपभ्रंश साहित्य

(D) संस्कृत-पाली साहित्य

49. राजकुंवरी खंय बंदिस्त आशिल्ली?

(A) सुर्याच्या म्हऱ्यांत

(B) सुर्याच्या कोटांत

(C) सुर्याच्या उजवाडांत

(D) सुर्याच्या किरणांत

50. 'कन्वरसेशन्स विथ गेटे' हे मूळ खंयचे भाशेंतलें पुस्तक आसा?

(A) इंग्लीश भाशेंतलें

(B) ग्रीक भाशेंतलें

(C) जर्मन भाशेंतलें

(D) हिब्रु भाशेंतलें

- o 0 o -

**Space For Rough Work**